# पुलीस महासंचालक आनी महानिरीक्षकांची राज्य पांवड्याचेर परिशद जाली

ता. 3 फेब्रुवारी 2026

गोंय पुलीस खात्यान आयोजीत केल्ली पुलीस महासंचालक आनी महानिरीक्षकांची राज्य पांवड्यावयली परिशद आयज पणजे हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षते खाला जाली.

परिशदेत मुख्यमंत्र्यान दिवचल पुलीस स्टेशनाक 2025 वर्सा खातीर भारतातले उत्कृश्ट पुलीस स्टेशन म्हूण पाचवे स्थान फावो जाल्ले खातीर प्रशस्तीपत्र भेटोवन उत्कृश्ट कामगिरी आनी भौशीक सेवेतल्या वचनबद्धतेची दखल घेतली.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान पुलीस यंत्रणां मजबूत करपाच्या आनी तांत्रिक क्षमता वाडोवपाच्या उद्देशान दोन म्हत्त्वपूर्ण उपक्रमांचो शुभारंभ केलो. तातूंत सायबर अर्थिक फसवणूक प्रकरणां खातीर ई-झिरो एफआयआर मॉड्यूल आनी प्रिझम (प्रोॲक्टिव्ह रिस्क आयडेंटिफिकेशन ॲंड सर्व्हेलन्स मेकॅनिझम) - इंटेलिजेंट फ्यूजन सेंटर हांचो आस्पाव आसा.

ह्या परिशदेक मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस महासंचालक श्री आलोक कुमार, पुलीस महानिरीक्षक श्री केशव राम चौरसिया, जिल्हाधिकारी, पुलीस अधीक्षक, खातें प्रमुख, आनी वरिश्ठ पुलीस अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/98

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.